# <u>अल्पसंख्यांक समाजांक आपरोजगारा खातीर रीण</u>

ता. 27 नोव्हेंबर 2019

गोंय सरकारान समाज कल्याण खात्याखाला गोंय राज्य अल्पसंख्यांक वित्त आनी विकास महामंडळाची स्थापणूक केल्ली आसून महामंडळावतीन अल्पसंख्यांक समाजातल्या लोकांच्या फायद्याखातीर साबार येवजणांची अंमलबजावणी करपात येता.

महामंडळान गोंय राज्यांत कमीत कमी 15 वर्सां राबीतो करपी ख्रिश्चन, मुस्लीम, सिख्ख, जैन आनी पार्सी अशां अल्पसंख्यांक समाजांतल्या मनशांक आपरोजगारा खातीर वर्साक 6% व्याज दरान 20 लाख रूपयां मेरेन मुजत रीण दिवपाची येवजण सुरू केल्या.

शेती आनी हेर संबंदीत, ल्हान वेवसाय, कारागिरी आनी पारंपारिक वेवसाय, येरादारी आनी सेवा अशा खंयच्याय वेवसायीक आनी तांत्रिकी दृश्टीन फायदेशीर आशिल्ल्या धंद्याखातीर रीण मंजूर करतात.

अल्पसंख्यांक समाजातल्या इत्सुक मनशांनी चड म्हायती खातीर उपसंचालक, समाज कल्याण संचालनालय, 18 जून मार्ग, पणजी गोंय हांगा खंयच्याय कामाच्या दिसा कार्यालयीन वेळेत संपर्क करचो.

म्हा /सप/ जाॅआ/ विगां/ 2019/809

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA